Panaji National 13th September 2026 8.40am

1. ब्रिक्स शिखर सभेचो आयज दुसरो आनी निमाणो दीस.
2. BRICS शिखर परिषद 2026 च्या पयल्या दिसाच नवी दिल्ली घोषणापत्र एकमतान मान्य केला.
3. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह तीन दिसांच्या मुंबय भोंवडेर आसा.
4. महिला क्रिकेटांत आयज दुबयंत जावपी टी-20 आशिया कप सर्तीच्या फायनलीत भारत श्रीलंका आड खेळटलो.
5. भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज गुजरातात  मुसळधार पावसाचो रेड अलर्ट जारी केला.

BRICS
ब्रिक्स शिखर सभेचो आयज दुसरो आनी निमाणो दीस. भारत चवथे खेपे ब्रिक्स शिखर परिशदेचे आयोजन करता. दोन दिसांची ही शिखर परिषद काल नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत सुरू जाली. शिखर परिषदेच्या पयल्याच दिसा BRICS देशांनी नवी दिल्ली जाहीरनामो 2026 आपणायले.

BRICS देशांनी आंतरराष्ट्रीय विवादांच्या शांततापूर्ण निराकरणाखातीर संवाद, सल्लामसलत आनी मुत्सद्देगिरीचे प्रयत्न चालू दवरपाची आपली बांधिलकी परत एक फावट व्यक्त केली. अस्तंत आशियांतल्या वाडत्या तणावाचेरय संघटनेच्या फुडाऱ्यांनी हुस्को उक्तायलो. BRICS फुडाऱ्यांनी फाटल्या वर्सा 22 एप्रिलाक जम्मू-काश्मिरांत जाल्ल्या दहशतवादी हल्ल्याची कडक निंदा केली आनी दहशतवादाच्या सगळ्या प्रकारां आनी स्वरूपां आड लडपाची बांधिलकी परत एक फावट व्यक्त केली.

आमच्या प्रतिनिधीन दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, आयज BRICS सदस्य आनी भागीदार देश “लवचिकता, नवकल्पना, सहकार आनी स्थिरता: समावेशक जागतीक विकासा

खातीर भवितव्य उबारप" ह्या विशयाचेर आयोजीत सत्रांत वांटो घेतले. आयजाच्या सत्राच्या समारोपा उपरांत पंतप्रधान नरेंद्र मोदी कझाकिस्तान, फिलिपिन्स, इजिप्त, दक्षिण आफ्रिका आनी बुरुंडीच्या राष्ट्राध्यक्षां वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतले. नायजेरिया आनी युगांडाच्या उपराष्ट्राध्यक्षां वांगडाय तांची बसका जातली.

BRICS

BRICS राष्ट्रांनी नवी दिल्लींत भारत मंडपमांत चलतल्या BRICS शिखर परिषद 2026 च्या पयल्या दिसाच नवी दिल्ली घोषणापत्र एकमतान मान्य केला.

शिखर परिषदेच्या पयल्या दिसा सत्राच्या शेवटाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जाहीरनामो आपणावपाचो प्रस्ताव मांडलो. आपल्या समारोपाच्या भाषणात पंतप्रधानांनी सांगलें की, आयज आपणायिल्ले नवी दिल्ली घोशणापत्र' सदस्य देशांच्या सामायिक निर्धाराक स्पष्ट दिशा दिता.

ह्या घोशणापत्रांत घटमूट बहुपक्षीयता आनी सखोल सहकार्या खातीर वचनबद्धतेचेर भर दिला. आनीक खोल अर्थीक आनी विकासात्मक सहकार्याचेर भर दिला आनी संवसारीक मुद्द्यांवेल्या निर्णयप्रक्रियेत विकसनशील देशांक चड प्रभाव मेळचो ह्या खातीरच्या आंतरराष्ट्रीय व्यवस्थेचे समर्थन केला. ब्रिक्स फुडाऱ्यांनी जगाच्या अनेक भागांनि सुरू आशिल्ल्या संघर्षांचेर आणि आंतरराष्ट्रीय व्यवस्थेतल्या ध्रुवीकरण व विखंडनाच्या सद्याच्यास्थितीचेर चिंता व्यक्त केली.

18 वी BRICS शिखर परिषद काल दनपरा नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत सुरू जाली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सदस्य देशांच्या फुडाऱ्यांक येवकार दिलो. आपल्या उद्घाटनाच्या भाषणांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी BRICS सातत्य आनी अंमलबजावणी यंत्रणेचो प्रस्ताव मांडलो. दर वर्सा BRICS चें अध्यक्षपद बदलत आसलें तरी ह्या गटाची संस्थात्मक गती कायम दवरप हें ह्या यंत्रणेचें उद्देश आसा.

MEA
BRICS शिखर परिषदेंत नवी दिल्ली जाहीरनाम्याचेर एकमत जावपाचें मुख्य कारण म्हणजे भारताच्या BRICS अध्यक्षपदाच्या काळांत वर्सभर वेगवेगळ्या पातळ्यांचेर जाल्लो सातत्यान संवाद अशें विदेश मंत्रालयान काल सांगलें. नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत काल सांजवेळार प्रसार मध्यमा कडेन संवाद सादताना, परराष्ट्र व्यवहार मंत्रालयाचे सचिव (ईआर) सुधाकर दलेला हांणी सांगलें की नवी दिल्ली जाहीरनामो मान्य जावप हो भारताच्या अध्यक्षपदाच्या काळांतली एक महत्त्वाची उपलब्धी आसा. भारताचे अध्यक्षपद 'जन-केंद्रित' आशिल्ल्याचे तांणी नमूद केले. भारताच्या अध्यक्षपदाच्या काळांत BRICS देशांनी केल्ल्या सहकार्य खातीरदलेला हांणी सगळ्या BRICS देशांचे आभार मानले.

Joshi
केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी सांगलें की, BRICS शिखर परिषद 2026 त जाल्लें भारत इनोव्हेट्स प्रदर्शन उच्च शिक्षण आनी संशोधन संस्थांतल्यान उदयाक येवपी नवनिर्मिती आनी नवकल्पना जगभर पावोवपाच्या उद्देशान तयार केलां. सोशल मिडिया पोस्टांत व्हिडियो संदेश शेअर करतना जोशी हांणी सांगलें, ह्या प्रदर्शनांत सगळ्या मानेस्तांक येवकार दिवप ही देशाखातीर अभिमानाची बाब.

Shah Mumbai
केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह तीन दिसांच्या मुंबय भोंवडेर आसा. आपल्या भेटी वेळार तो मुंबयच्या एशियाटिक सोसायटीक भेट दितलो, BKC तल्या भारत डायमंड बोर्सांत GJEPC पुरस्कार सोहळ्याक हाजीर रावतले आनी लालबागच्या राजाचें दर्शन घेतले. मुंबईच्या एशियाटिक सोसायटींत केंद्रीय गृहमंत्री "श्री गणेश ज्ञानआरती' ह्या खास तयार केल्ल्या हस्तलिखितांच्या प्रदर्शनाचें उद्घाटन करतले. तशेंच ते ग्रंथालयाक भेट दितले, हस्तलिखित हस्तलिखित जतन प्रयोगशाळेच्या कामाची पळोवणी करतले आनी उपेस्तितांक संबोधीत करतले.सोमारा शाह नवी मुंबयत वाशीतल्या सिडको प्रदर्शन केंद्रांत हिंदीचेर केंद्रीत केल्ल्या सव्या अखिल भारतीय राजभाषा सम्मेलनाक हाजीर रावपाचे आसात.

Chauhan

कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराजसिंह चौहानान काल देशभरांतल्या लखपती दीदी, आप माजत गटांतल्यो बायलो आनी प्रधानमंत्री आवास येवजण-ग्रामीणच्या लाभार्थ्यां कडेन virtual रित्या संवाद साधलो. ह्या बायलांनी लाखपती जावन सबलीकरणाचो एक आदर्श निर्माण केला अशें चौहानान सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें. तांचें कश्ट आनी आत्मविश्वास पळोवन ताणें खोशी व्यक्त केली.

AI

एआय कंपनी अँथ्रोपिकचे सीईओ, डारिओ अमोडेई हाणी एआय उद्योगाच्या वेगवान विकासाचो वेग उणो करपाचे आवाहन केला. तंत्रज्ञानाच्या गतीकडेन जुळवून घेवपाखातीर सुरक्षा उपायांक वेळ लागतलो, असे तांचे म्हणणे आसा. सुरक्षेचे घटमूट उपाय नासतना एआय स ते बारा म्हयन्यां भितर एका गटाचें फुडारपण करपाक सक्षम जावंक शकता अशी शिटकावणी तांणी दिल्या. ओपनएआयचे सीईओ सैम ऑल्टमैन आनी xAI मुखेली एलान मस्क हांणी ह्या आवाहनाक तेंको दिला.

Cricket

क्रिकेटांत, भारत आयज दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमांत अफगाणिस्तान आडच्या तीन मॅचींच्या टी-20 माळेचो सुरू करतलो. पयली मॅच भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली. मंगळारा दुसरी टी-20, उपरांत बिरेस्तारा तिसरी आनी निमाणी मॅच जातली. तिनूय खेळ एकाच सुवातेर जातले आनी एकाच वेळार सुरू जातले. तिनूय मॅची एकाच सुवातेर जातल्यो.

T20

महिला क्रिकेटांत आयज दुबयंत जावपी टी-20 आशिया कप सर्तीच्या फायनलीत भारत डिफेंडिंग चॅम्पियन श्रीलंका आड खेळटलो. हि मॅच भारतीय वेळा प्रमाण रातच्या 8 वरांचेर सुरू जातली. श्रीलंकान पाकिस्तानाक चार विकेटींनी हारोवन फायनलींत पावल घाले. उपांत्य फेरयेंत बांगलादेशाक 40 धांवड्यांनी हारयले उपरांत सात वेळां आशिया कप जिंकल्ल्या भारतान गट टप्प्यांत तीनूय सामने जिंकून अव्वल स्थान मेळयलें.

श्रीलंकेन 2024 वर्साचे आवृत्तीच्या फायनलींत भारताक हारोवन आशिया कपांत पयलें फावट खिताब मेळयलें.

Hockey

हॉकींत, भारतान काल चीनांतल्या मोकी हांगा दक्षिण कोरियाचेर 5-1 अशें दणदणीत जैत मेळोवन महिला ज्युनियर आशिया कप 2026 च्या फायनलीत पावल घाले. सर्तीच्या फायनलीत भारत येजमान चीना आड खेळटलो.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज गुजरातात अति मुसळधार पावसाचो रेड अलर्ट जारी केला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण, मध्य प्रदेश, सौराष्ट्र आनी कच्छ हांगा मुसळधार ते अति मुसळधार पावसाची शक्यता आसा. IMD प्रमाण, आंध्र प्रदेशाचो किनारी भाग, राजस्थान, हरियाणा, पंजाब, चंदीगड, उत्तराखंड, पश्चिम बंगाल, सिक्कीम आनी ईशान्य भारतातल्या कितलेशा भागांनी आयज मुसळधार पावसाची शक्यता आसा.